नौदळाच्या एनसीसी विभागान राष्ट्रीय एकता दीस मनयलो

ता. 31 ऑक्टोबर 2026

नौदळाच्या गोंय एनसीसी विभागान आयज पेडणेच्या मल्टिपर्पज इंडोर स्टेडिएमात व्हडा उमेदीन आनी देशभक्तीच्या भावनेन राष्ट्रीय एकता दीस मनयलो. राज्यभरांतल्या विविध शिक्षणीक संस्थांतल्यान 620 एनसीसी छात्रसैनिकांनी कार्यक्रमात वाटो घेतिल्लो.

5 किलो मिटर अंतराच्या रन फॉर युनिटी ह्या धावपाच्या रॅलीवरवीं राष्ट्राची एकात्मता आनी सुरक्षा सांबाळून दवरपाचो संदेश दिलो. उपरांत छात्रसैनिकांनी देशाची एकात्मता आनी अखंडता राखून दवरपाचो सोपूत घेतलो.

पोलादी पुरूस सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या जयंती दिसा राष्ट्रीय एकता दीस मनयतात. ह्या वेळार छात्रसैनिकांक सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या देशा खातीर केल्ल्या योगदानाची जाणीव करून दिली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/682

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.